# राज्यांतली सात तळीं पाणथळ क्षेत्र म्हूण अधिसूचीत

## लोकांकडल्यान हरकती मागयल्या

वेटलँड (संवर्धन आनी वेवस्थापन) नेम 2017 च्या अनुषंगान गोंय राज्यांन पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्याच्या गोंय राज्य वेटलँड प्राधिकरणा मार्फत 20 ऑक्टोबर 2022 च्या अधिकृत राजपत्रात बोंडवेल तळे, कालापूर- तिसवाडी, पंचमी तळे, खांडेपार- फोंडा, कोनेचे तळे, कोने प्रियोळ फोंडा, तरवळे तळे, शिरोडा फोंडा, पाली तळे, दवर्ली दिकारपाल साश्ट, सुलाभाट तळे, आगशी तिसवाडी आनी उड्डेन तळे, शिरोडा-फोंडा ही राज्यांतली सात तळीं पाणथळ (वेटलँड) क्षेत्र म्हूण अधिसूचीत केल्यात आनी लोकांकडल्यान ह्या अधिसूचोवणेचेर 60 दिसांभितर म्हळ्यार 19 डिसेंबर 2022 मेरेन हरकती मागयल्या.

चड माहितीखातीर https://gswa.goa.gov.in/ चेर भेट दिवची आनी आपली गाराणी/ सूचोवण्यो ms-gswa.goa@gov.in चेर ईमेल करच्यो वा हार्ड कॉपी नोडल एजन्सी गोंय राज्य वेटलँड प्राधिकरण, साळगांव सेमिनारी सामकार, साळगांव, बार्देस गोंय- 403511 ह्या नाम्याचेर धाडच्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/670

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji